16.04.2026 8.40 am

मुखेल खबरो

- संसदेच्या विस्तारित अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचे तीन दिसांचे खासा विशेष अधिवेशन आजसावन सुरू जाता.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ऑस्ट्रियाचे चॅन्सलर डॉ. ख्रिश्चन स्टॉक आज नवी दिल्लीत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले द्‌विपक्षीय सहकार्य अधिक बळकट करपाविशी चर्चा करतले.
- युवा व्यवहार आनी खेळा मंत्रालय शुक्रार तशेच शेनवार देशव्यापी 'नारी शक्ती वंदन दौड'चे आयोजन करतले.
- जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर ‘हाऊसलिस्टिंग आनी हावसिंग जनगणना’ आयज सावन सुरु.

अधिवेशन

संसदेच्या विस्तारित अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचे तीन दिसांचे खासा विशेष अधिवेशन आजसावन सुरू जाता. या महिन्याच्या १८ तारखे मेरेन चलपी या अधिवेशनात प्रामुख्यान 'नारी शक्ती वंदन अधिनियम'मधल्या घटनादुरुस्तीर लक्ष केंद्रित करतले. हो कायदो 2023 वर्सा संमत जाल्लो आनी लोकसभा आनी राज्य विधानसभांनी बायलां खातीर 33 टक्के आरक्षण प्रस्तावीत केल्लो. तीन विधेयक अशे आसात: संविधान (एकशें एकतीस दुरुस्ती) विधेयक 2026; केंद्रशासित प्रदेश कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, 2026; आनी सीमांकन विधेयक, 2026 संविधान (दुरुस्ती)आसा.

ह्या विधेयकांत भारताच्या संविधानांत आनीक दुरुस्त्यो करपाचो यत्न केला, जाल्यार केंद्रशासित प्रदेश कायदो (दुरुस्ती) विधेयकांत 'केंद्रीय प्रदेश सरकार कायदो, 1963', 'दिल्ली राश्ट्रीय राजधानी प्रदेश सरकार कायदो, 1991' आनी 'जम्मू आनी काश्मीर पुनर्गठन कायदो, 2026' हातूंत दुरुस्ती करपाचो प्रस्ताव आसा. २०२९ च्या लोकसभा वेचणुकीत बायला आरक्षण कायदो लागू करपाक मेळचो हे खातीर घटनेत दुरुस्ती करपाक हे विशेष अधिवेशन आफयला.

काय दिसां आदी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनीय लोकसभा आनी राज्यसभेच्या सभागृह फुडाऱ्यांक पत्र बरोवन या संदर्भात दुरुस्त्यो मंजूर करपाक सगळ्या पक्षांक एकजुटीन एकठाय येवपाचे आवाहन केल्ले. २०२९च्या लोकसभा आनी विधानसभा वेचणुको बायला आरक्षणासयत घेवप गरजेचे आसा हाचेर, मोदींनी भर दिल्लो संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हांणीय आश्वासन दिला की, बायला आरक्षण विधेयक संतुलित आसून तातुंत प्रत्येक राज्य, समुदाय आणि प्रदेशाच्या आकांक्षांची जतनाय घेतले. भाजप, जेडी(यू), एलजेपी(आर) आनी काँग्रेस सयत खुपशा राजकीय पक्षांनी दोनुय सभागृहांतल्या आपल्या सगळ्या खासदारांक सभागृहाच्या कामकाजा वेळार उपस्थित रावन आपल्या पक्षाच्या भूमिकेक तेको दिवपाक तिहेरी व्हीप जारी केला. मजगती काँग्रेस अध्यक्ष आणि राज्यसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हाणी सांगले की, विरोधी पक्ष बायला आरक्षण विधेयकाच्या वटेन आसात, पुण ज्या पद्धतीन हे विधेयक हाडला त्याबद्दल त्यांनी चिंता व्यक्त केली.

PM Karnataka

'विकसीत भारत' साकार करपा खातीर उदरगतीच्या मळार प्रामाणीकपणान समर्पीत जावचें अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक केलां. कर्नाटकांतल्या आदिचुंचनागिरी मठातल्या गुरु भैरवैक्य देवळाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत काल उलयतना प्रधानमंत्री हांणी सांगलें की समाजा खातीर आपलें जिवीत ओंपपी संतांची आनी समाजाची हीच नदर आशिल्ली.

स्टॉक

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ऑस्ट्रियाचे चॅन्सलर डॉ. ख्रिश्चन स्टॉक आज नवी दिल्लीत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले द्विपक्षीय सहकार्य अधिक बळकट करपाविशी चर्चा करतले. तशेच, बहुपक्षीय माच्येर सहकार्यासयत परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतिक मुद्द्यांचेरुय ते विचारांची देवाणघेवाण करतले. परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी एका सोशल मीडिया पोस्टात विश्वास व्यक्त केला की, डॉ. स्टॉक यांची प्रधानमंत्री मोदीकडे जावपी चर्चा वेगवेगळ्या क्षेत्रांत अधिक सहकार्यासाठी नवीन वाटो उक्ती करतली.

वेचणुक

२३ एप्रिलाक तामिळनाडू विधानसभा वेचणुक आणि पश्चिम बंगालच्या पयल्या टप्प्यातल्या वेचणुका खातीर वेचणूक आयोगान मतदार माहिती पत्रकांचे (VIS) वितरण सुरू केला.

एका निवेदनात, वेचणूक आयोगान म्हनला की, मतदार माहिती पत्रकात मतदारां चो तपशील, मतदान केंद्राची सुवात, मतदानाची तारीख आणि वेळ, मतदान केंद्राच्या नकाशाचो स्नॅपशॉट आणि मतदानाच्या दिसा मतदारांक मार्गदर्शन कर पाक किते करचे आणि किते करचे न्ध्य याची वळेरी आसा. तातुंत एक क्यूआर कोड (QR code) लेगीत आसा जो मतदारांक मतदारांचो तपशील सोदुक आणि जुळोवपाक मदत करता. मतदार माहिती पत्रकाक लागुन मतदान केंद्रां वेली गर्दी कमी जावपाक आनी  जलद मतदान जावपाक मदत जाता. मतदारांच्या सोयी खातीर मतदार माहिती पत्रक अधिक वाचनीय आणि सुलभ करपाची सूचना आयोगान आदीच दिल्या.

चौधरी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज बिहारचे मुख्यमंत्री म्हणून शपथ घेतल्याबद्दल सम्राट चौधरी हांचे अभिनंदन केले आणि  शुभेच्छा दिल्यो सोशल मीडियावेल्या एका पोस्टात प्रधान मंत्र्यानी म्हणले की, चौधरी हांची ऊर्जा, लोक सेवेखातीर आशिली निष्ठा आणि तळागाळातलो अणभव राज्या खातीर अत्यंत फायदेशीर थारतलो.चौधरी हांच्या सक्षम नेतृत्वाचेर विश्वास व्यक्त करताना मोदीनी म्हणले की, लोकांच्या आकांक्षा पू राय करत बिहार सर्वांगीण विकासाची नवी उंचाय गाठतले.मजगती मोदीनी बिहारचे उपमुख्यमंत्री म्हणून शपथ घेतल्याबद्दल विजय कुमार चौधरी आणि बिजेंद्र प्रसाद यादव हांचेय अभिनंदन केले.

'नारी शक्ती

युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्रालय, बायला फुडारपणाखालच्या विकासाक चालना दिवपाक आणि 'विकसित भारत'च्या संकल्पनेत नागरिकांचो सहभाग बळकट करपाक सुरू आशिल्या उपक्रमांचो एक भाग म्हणून, शुक्रार आणि शेनवार देशव्यापी 'नारी शक्ती वंदन दौड'चे आयोजन करतले. मंत्रालयान सांगले की, 'नारी शक्ती वंदन' या संकल्पनेर आधारित हो कार्यक्रम शुक्रा पाटणा आनी जयपूरात, तर शेनवारा .दिल्ली, कटक, मुंबई, इंदूर आनी बंगळूरुत येथे आयोजित करतले . मंत्रालयान नमूद केले की, या उपक्रमा चो उद्देश विद्यार्थी, व्यावसायिक, उद्योजक, खेळाडू आणि नागरी समाजाच्या सदस्यांस यत वेगवेगळ्या फाट्भुयेच्या  बायलां चो व्हडा प्रमाणार सहभाग एक ठाय करप आसा. हो उपक्रम सध्या सुरू आशिल्या संसद अधिवेशनाच्या फाटभुंयेर आयोजित करतात जातुत बायलांचे प्रतिनिधित्व आणि मतदारसंघ पुनर्रचनेच्या प्रक्रियेकडे संबंधित महत्त्वाच्या चर्चां चेर विचारविनिमय सुरू आसा

जनगणना

जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर ‘हाऊसलिस्टिंग आनी हावसिंग जनगणना’ खातीर आयज सावन जायत्या राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांत क्षेत्रीय कामकाज सुरू जातलें अशें गृह मंत्रालयान जाहीर केलां.

अंदमान आनी निकोबार जुंवे, गोंय, कर्नाटक, लक्षद्वीप, मिझोरम, ओडिशा आनी सिक्किम ह्या राज्यांनी आयच्यान ही प्रक्रिया सुरू जातली अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां; तशेंच राष्ट्रीय राजधानी क्षेत्रातल्या NDMC आणि Delhi Cantonment Board हद्दीत सुरू जातले.

विक्रम

भारतीय ध्वज आशिल्ले एलपीजी जहाज 'एमव्ही जग विक्रम' गुजरातच्या कच्छ हांगाच्या दीनदयाळ बंदरात यशस्वीरित्या पावले. २०,४०० मेट्रिक टन एलपीजी घेऊन वचपी हे जहाज दीनदयाळ बंदरात ऑइल जेट्टी क्रमांक १ चेर नांगरले. अमेरिका आणि इराणामरी १४ दिसांच्या शस्त्रसंधीच्या घोषणे उपरांत होर्मुझच्या सामुद्रधुनीत ल्यान प्रवास करपी हे पयले भारतीय जहाज आशिल्यान, ताचे आगमन महत्त्वपूर्ण आसा.

टिसीएस

महाराष्ट्रांतल्या नाशिक हांगाच्या टाटा कन्सल्टन्सी सर्विसेस (टीसीएस) बीपीओ युनिटांतल्या बायलांच्या कथित लैंगिक छळाबाबत प्रसार माध्यमांतल्यान आयिल्ल्या अहवालांचो राष्ट्रीय बायलां आयोगान सुओ मोटू घेतला. ह्या घडणुकेची सविस्तर चवकशी करपा खातीर ‘तथ्य सोद समिती’ स्थापन केल्या अशें आयोगान निवेदनांत म्हणलां. समिती शेनवारा ह्या सुवातेक भेट दितली आनी 10 कामाच्या दिसां भितर आयोगाक अहवाल सादर करचो पडटलो.

क्रिकेट

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांर रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून लखनौ सुपर जायंटसाक  पांच विकेटींनी हारयले. आयज मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स म्द्लो खेळ मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांर  सांजवेळा 7:30 वरांचेर जातलो

हवामान

भारतीय हवामान विभागान आज छत्तीसगड, पूर्व मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक आणि तेलंगणा हांगा उष्णतेच्या ल्हाराचो अंदाज दिला. आज केरळ, माहे, कोकण, गोवा आनी गुजराताातय अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यता आसा.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- संसदेच्या विस्तारित अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचे तीन दिसांचे खासा विशेष अधिवेशन आजसावन सुरू जाता.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आणि ऑस्ट्रियाचे चॅन्सलर डॉ. ख्रिश्चन स्टॉक आज नवी दिल्लीत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले  द्विपक्षीय सहकार्य अधिक बळकट करपाविशी चर्चा करतले.
- युवा व्यवहार आनी खेळा मंत्रालय शुक्रार तशेच शेनवार देशव्यापी 'नारी शक्ती वंदन दौड'चे आयोजन करतले.
- जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर ‘हाऊसलिस्टिंग आनी हावसिंग जनगणना’ आयज सावन सुरु.